**सभापती  हस्तुकीं लावधारकांक रान हक्क सनद, मंजूरी पत्रां भेटयली**

ता. 7 सप्टेंबर 2023

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री रमेश तवडकर आनी कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे हांचे हस्तुकीं गोंय राज्य अनुसूचीत जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाच्या येवजणांच्या लावधारकांक मंजूरी पत्रां आनी रान हक्क सनद वाटल्यो. गोंय राज्य अनुसूचीत जमाती वित्त आनी विकास महामंडळान आदिवासी संशोधन संस्था आनी आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या सहकार्यान फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिरात आयज आयोजीत कार्यक्रमात उद्देजकताय आनी रान हक्क कायद्याचेर आयोजीत कार्यशाळेचेय उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना सभापती श्री रमेश तवडकर हांणी राज्यांतल्या आदिवासी समाजाच्या कल्याणाखातीर काम करपाक आपूण कटीबद्द आशिल्ल्याचें सांगून आदिवासी लोकांनी सरकारान तांच्या फायद्याखातीर अंमलबजावणी केल्ल्या विविद येवजणांचो लाव घेवपाक फुडें येवपाक सांगलें. आदिवासी संस्कृती ही गोंयच्या अस्मितायोचो अविभाज्य भाग आशिल्ल्याचे सांगून ती सांबाळून दवरपाची गरज उक्तायली. आदिवासी समाजातल्या लोकांच्यो समस्यां सोडोवपाखातीर लोकप्रतिनिधींनी सकारात्मक दृश्टीन काम करपाक सांगलें.

कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी आदिवासी समाजातल्या उद्देजकांक आपलो पाठिंबो व्यक्त करतना तांच्या मदती खातीर गुंतवणुकीची तजवीज आदीच केल्ल्याचें सांगलें. जीणेत यशस्वी जावपा खातीर उच्च शिक्षणा वांगडाच जिद्द आनी चिकाटी म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचें सांगून आदिवासी समाजातल्या युवकांनी आपले उद्दीश्ट आनी ध्येय निश्चित करून आपरोजगाराच्यो संधी निर्माण करपाचेर भर दिवपाक सांगलें.

“उटा” चे अध्यक्ष श्री प्रकाश वेळीप हांणी आदिवासी समाजाच्या सक्षमीकरणा खातीर सगळ्यांनी एकवटान काम करपाची गरज उक्तायली.

कार्यशाळेत रान हक्क नोडल अधिकारी श्री अजय गावडे हांणी रान हक्क कायदो, श्री प्रवीण सबनीस हांणी उद्देजकता आनी गोंय विद्यापीठाच्यो सहाय्यक प्राध्यापक डॉ. लता गावडे हांणी नुस्ते पोसपाच्या वेवसायाविशीं मार्गदर्शन केले.

एससी/एसटी आयोगाचे अध्यक्ष श्री. दीपक करमळकर, गोंय राज्य अनुसूचीत जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे अध्यक्ष वासुदेव मेंग गांवकर, दक्षीण गोंय अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. दीपक देसाय, गोमंतक गौड मराठा समाजाचे अध्यक्ष श्री विश्वास गावडे आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

आदिवासी संशोधन संस्थेचे संचालक आनी गोंय राज्य अनुसूचीत जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक शंकर गावकर हांणी मानेस्ताक येवकार दिलो. श्री.

उमेश खोलकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले, जाल्यार आदिवासी कल्याण संचालनालयाचे संचालक दशरथ रेडकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/704

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.